गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 05 वर्स 2024**

**10.05.2024 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. **प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24-05-2024 आसा. फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रूपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24-06-2024 आसा.** ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार,**"सुचोवण्यांनी"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप**:-1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें अर्ज शुल्क भरचें पडटले.

ए) **ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) **ऑफलायन**

- ई- चलन जनरेट करचें
- गोंयात आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय शाखेंत फकत निमाण्या तारखेक वा ताचे आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधता जरी ई चलन जनरेट जाले उपरांत सात दिस आसली तरी)
- ह्या ई चलनाचेर बँकेचो स्टॅम्प गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाच्या निमाण्या तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत स्टॅम्प मारिल्लें ई-चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाले उपरांतच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणें तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लें अर्ज रोखडेच न्हयकारतले आनी ह्या फारीकणीचो परतावो दिवचे नात.

4) अर्जात उमेदवाराचो ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चुकनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्याचेर/ मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवण्यां खातीर तांचे ईमेल खातें/मोबायल फोन/ आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

## I.भौशीक भलायकी खातें

अ. गोंय वैजकी म्हाविद्यालय

प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून

1.सहयोगी प्राध्यापक:(Associate Professor in)

(i) आप्तकालीन वखद, (Emergency Medicine) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून...... 2 पदां (अन- आरक्षीत) (3 रे फावटी)

(ii) इंडोक्रिनॉलॉजी (Endocrinology) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून ............ 2 पदां (अन- आरक्षीत) (3 रे फावटी)

(iii) मॅडीकल ऑन्कोलॉजी (Medical Oncology) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून ...... 1 पद (अन- आरक्षीत) (3 रे फावटी)

आवश्यक: केंद्र/ राज्य सरकार/ केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासना अंतर्गत समान पदां आशिल्ले अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो कालावधी तीन वर्सां परस चड आसूंक जायना)

थेट भरती वरवीं

बी. मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था (Institute of Psychiatry and Human Behavior)

**क्लिनिकल मानसशास्त्रज्ञ ..... 2 पदां 1- अन-आरक्षीत, 1- हेर मागास वर्गियां खातीर) 2 पदां भितरले एक पद दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर- हालचालींचें दिव्यांगत्व/लोकोमोटर (एक हात, एक पांय, दोनूय हात, दोनूय पांय, एक हात पांय, दोनूय पांय एक हात, दोनूय पांय हात, कुश्टरोग पिडीत (लॅप्रोसी क्युअर्ड), गिड्डो (ड्वार्फीजम), ऍसीड हल्लो पिडीत) (पदधारकाची गतिशिलताय आनी हाताची क्रियाशिलताय फावो ती आसूंक जाय) (2 रे फावटी)**

**टीप : जरी शारिरीक दिव्यांगत्व, सीएफएफ आनी माजी सेवक श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार अन- आरक्षीत श्रेणींतल्यान तितलींच पदां रिक्त दवरतले.**

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक- (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान मानसशास्त्रांत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान /संस्थेंतल्यान तत्वज्ञानांत पदव्युत्तर पदवी (क्लिनिकल मानसशास्त्र) वा वैजकीय आनी समाज मानसशास्त्रांत पदविका (दोन वर्सांचो पाठ्यक्रम)वा तत्सम. (iii) मानसशास्त्र वा क्लिनिकल मानसशास्त्र वा वैजकीय आनी समाज मानसशास्त्रांत मानसीक चांचणी आनी समुपदेशन क्षेत्रांत दोन वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– (i) मान्यतायप्राप्त विद्यापिठांतल्यान संबंदीत क्षेत्रांत डॉक्टरेट पदवी वा तत्सम. (iii) मराठीचें गिन्यान.

<u>सी. भलायकी सेवा संचालनालय</u>

**कनिश्ठ विकिरणशास्त्रज्ञ (Junior Radiologist) ….. 2 पदां (1- अन-आरक्षीत, 1- हेर मागास वर्गिंया खातीर आरक्षीत) (3 रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:**रू. 15,600 – 39,100 + 5,400(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकीय कायदो, 1956( 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :**– मराठीचें गिन्यान.

## <u>II. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय</u>

<u>**गोंय वास्तूशिल्पशास्त्र महाविद्यालय**</u>

**1.वास्तूशिल्पशास्त्रांत प्राध्यापक (professor in Architecture) ..........**

**1 पद (अन-आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी** : टप्पो 14 (रू. 37400–67000+ ग्रेड पे 10,000/- पूर्व सुदारीत) **पिरायः** 50 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (1) वास्तूशास्त्र विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम पदवी, एक तर बॅचलर्स वा मास्टर पदवी. (2) योग्य त्या श्रेत्रांत पीएचडी वा तत्सम. (3) शिकोवप/संशोधन/वेवसायांत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो अणभव, जातूंतलीं उण्यांत उणीं 5 वर्सां सहयोगी प्राध्यापकाच्या स्तराचेर आसूंक जाय.

**वा**

(3) शिकोवपांत आनी/वा संशोधन आनी/वा वेवसायीक क्षेत्रांत उण्यांत उणो 13 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः**(1) संशोधन अणभवाचे बाबतींत, निवड समितीक योग्य शिक्षणीक रॅकॉर्ड आनी पुस्तकां/संशोधन पेपर प्रकाशनां/बौध्दीक मालमत्ता हक्क/पेटण्ट रॅकॉर्डाची गरज आसतली. जरी वेवसायीक अणभवाचो विचार केलो जाल्यार तो वेवस्थापकीय सहयोगी प्राध्यापकाच्या पांवड्यार आसूंक जाय, जंय निर्माण/रचना, नियोजन, अंमलबजावणी, विश्लेशण, गुणवत्ता नियंत्रण, नवनिर्माण, प्रशिक्षण तंत्रीक पुस्तकां/ संशोधन पेपर प्रकाशनां/बौध्दीक मालमत्ता हक्क/पेटण्ट आनी हेर क्षेत्रांत सक्रीय वांटेकार आशिल्ल्याक, निवड समिती योग्य थारायतली.

टीपः (2) वास्तूशास्त्र संबंदीत, वास्तूशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्लो 10 वर्सांचो वेवसायीक अणभव वैध धरतले.
(4) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.
ऐच्छिक: (i)पीएच.डी उपरांत प्रकाशनां आनी पीएच.डी च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केल्लें आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

<u>बी. गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालय</u>

1. सहाय्यक प्राध्यापक:(Assistant Professor in)

ए. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी दूरसंचार अभियांत्रिकी (Electronics and Telecommunication Engineering) ....... 1 पद (अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत)

बी. धातूविज्ञान, यांत्रिकी अभियांत्रिकी विभाग (Metallurgy, Department of Mechanical Engineering) ....... 1 पद (अन-आरक्षीत)

सी. यांत्रिकी अभियांत्रिक (Mechanical Engineering) ....... 1 पद (हेर मागास वर्गिंया खातीर आरक्षीत)

वेतन श्रेणी:रू. 15,600 – 39,100 + 6,000 (पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.
शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-
आवश्यक: मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाच्या योग्य त्या शाखेंतल्यान पयले श्रेणीची बी.ई (B.E.) / बी.टॅक (B.Tech.) वा एम.ई (M.E.) /एम.टॅक (M.Tech.) वा तत्सम एक तर (B.E.) / बी.टॅक (B.Tech.) वा एम.ई (M.E.) /एम.टॅक (M.Tech.) पदवी.

टीपः वयल्या उद्देशा खातीर "संबंदीत" म्हणल्यार ज्या फांट्यांत पद भरपाचें आसा वा ज्या विशयांचो आसपाव आसा अशें ज्या फांट्यांत जंय समानतेचें प्रात्यक्षीक पुरावे आसात.
(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

2. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी दूरसंचार अभियांत्रिकी विशयांत प्राध्यापक (Professor in Electronics and Telecommunication Engineering) ..... 1 पद (अन-आरक्षीत)

वेतन श्रेणी : टप्पो 14 (रू. 37400–67000+ ग्रेड पे 10,000/- पूर्व सुदारीत) पिरायः 50 वर्सां परस चड आसूंक जायना.
शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-
आवश्यक:_(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान योग्य त्या श्रेत्रांत पीएचडी वा तत्सम. (पीएचडीच्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन करपी व्यक्ती आनी पीएचडी उपरांत प्रकाशन आसप सामकें गरजेचें आसा). (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाच्या योग्य त्या शाखेंतल्यान पयले श्रेणीची बी.ई (B.E.) / बी.टॅक (B.Tech.) वा एम.ई (M.E.) /एम.टॅक (M.Tech.) वा तत्सम एक तर (B.E.) / बी.टॅक (B.Tech.) वा एम.ई (M.E.) /एम.टॅक (M.Tech.) पदवी. (iii)

शिकोवप/संशोधन/वेवसायांत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो अणभव, जातूंतलीं उण्यांत उणीं 5 वर्सां सहयोगी प्राध्यापकाच्या स्तराचेर आसूंक जाय.

वा

(iii) शिकोवपांत आनी/वा संशोधन आनी/वा वेवसायीक क्षेत्रांत उण्यांत उणो 13 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

टीपः संशोधन अणभवाचे बाबतींत, निवड समितीक योग्य शिक्षणीक रॅकॉर्ड आनी पुस्तकां/संशोधन पेपर प्रकाशनां/बौध्दीक मालमत्ता हक्क/पेटण्ट रॅकॉर्डाची गरज आसतली. जरी वेवसायीक अणभवाचो विचार केलो जाल्यार तो वेवस्थापकीय सहयोगी प्राध्यापकाच्या पांवड्यार आसूंक जाय, जंय निर्माण/रचना, नियोजन, अंमलबजावणी, विश्लेशण, गुणवत्ता नियंत्रण, नवनिर्माण, प्रशिक्षण तंत्रीक पुस्तकां/ संशोधन पेपर प्रकाशनां/बौध्दीक मालमत्ता हक्क/पेटण्ट आनी हेर क्षेत्रांत सक्रीय वांटेकार आशिल्ल्याक, निवड समिती योग्य थारायतली.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक: (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

3. सहयोगी प्राध्यापक : (Associate Professor in)

ए. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी दूरसंचार अभियांत्रिकी (Electronics and Telecommunication Engineering) ....... 5 पदां ( 4- पदां अन- आरक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गिंया खातीर आरक्षीत)

बी. इलॅक्ट्रिकल आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स अभियांत्रिकी (Electrical and Electronics Engineering) ..... 1 पद (अन- आरक्षीत)

वेतन श्रेणी : टप्पो 13- ए1 (रू. 37400–67000+ ग्रेड पे 9,000/- पूर्व सुदारीत) पिरायः 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-

आवश्यक: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान योग्य त्या श्रेत्रांत पीएचडी वा तत्सम. (पीएचडीच्या विद्यार्थ्याक मार्गदर्शन करपी व्यक्ती आनी पीएचडी उपरांत प्रकाशन आसप सामकें गरजेचें आसा). (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाच्या योग्य त्या शाखेंतल्यान पयले श्रेणीची बी.ई (B.E.) / बी.टॅक (B.Tech.) वा एम.ई (M.E.) /एम.टॅक (M.Tech.) वा तत्सम एक तर (B.E.) / बी.टॅक (B.Tech.) वा एम.ई (M.E.) /एम.टॅक (M.Tech.) पदवी. (iii) शिकोवप/संशोधन/वेवसायांत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव, तातूंतलीं 2 वर्सां पीएचडी उपरांतचो अणभव आसप गरजेचो आसा. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक: (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

सी. सरकारी पॉलिटॅक्नीक (Government Polytechnic)

वास्तुशिल्प सहाय्यकपदांत व्याख्यातो (Lecturer in Architectural Assistantship) ....... 1 पद (अन-आरक्षीत)

वेतन श्रेणीः सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक : (i) वास्तुशिल्पांत पयल्या श्रेणींत पदवी वा तत्सम पात्रताय आसूंक जाय.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## III. महिला आनी बाल विकास संचालनालय

परिविक्षा अधिकारी (अस्तुरी) (Probation Officer) (Female) .... 2 पदां (1 पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत) (अंधत्व आनी कमी दिसप) आनी 1 पद सीएफएफ खातीर आरक्षीत) (4 थे फावटी)

टीप 1: जरी दिव्यांग व्यक्तीच्या वर्गांत उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, ताका दिव्यांगत्वाच्या चार वर्गांनी अदला-बदल करून भरूं येता

वेतन श्रेणी: रू. 9,300-34,800 + GP 4600/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-7 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ वा तत्सम संस्थेंतल्यान पोशण वा भुरगें विकास हो विशय घेवन समाज सेवा / समाज कल्याण / समाज कार्य / समाजशास्त्र / मानसशास्त्र / गृह विज्ञान हातूंत मास्टर पदवी. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छीक: मराठीचें गिन्यान.

## IV. उच्च शिक्षण संचालनालय

सरकारी म्हाविद्यालय

हिन्दी विशयांत सहाय्यक प्राध्यापक .... 1 पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत (अंधत्व आनी कमी दिसप) (6 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

**आवश्यक :** (I) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद, वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली: पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी प्राप्त जाल्या वा मेळळया, जी "विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पद्धत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां म्हाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटी चे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली." (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छीक:** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

***अनुसुचीत जात/अनुसुचीत जमात/हेर मागास वर्गीय/दिव्यांग व्यक्ती ह्या वर्गां खातीर पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर पात्रतायेच्या निकशांत आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बऱ्या शिक्षणीक नोंदीचें मुल्यांकन करूंक 5 टक्के सूट दिवं येता.**